मुखेल खबरो :

केंद्रीय वेचणूक आयोगान अनूसूचित जमातीखातीर २०२७ विधानसभा वेचणूकेंत आरक्षण लागू करचें, भाजपाची मुखेल निर्वाचन आयोगाकडेन मागणी.

राना आनी पर्यावरण खात्याचे मंत्री भूपेंद्र यादव हांची भेट घेत हरीत वाठार तशेच शाश्वत उदरगतीचेर चर्चा केली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिली.

गोंय राज्यांत रगतांतली साखर म्हणल्यारुच गोडे मुताचे प्रमाण चड आसा अशे राष्ट्रीय कुटुंब भलायकी सर्वेक्षण 2023-24 प्रमाण दिसून आयलां.

मान्सून बेगीनूच गोंयात, ३ आनी ४ जूनाक यलो अलर्ट, वेदशाळेन दिली म्हायती

आता खबरो विस्तारांत

केंद्रीय वेचणूक आयोगान एसटी म्हळ्यार अनूसूचित जमातीखातीर २०२७ विधानसभा वेचणूकेंत आरक्षण लागू करचें, अशी मागणी भारतीय जनता पक्षान मुखेल निर्वाचन आयोगाकडेन केल्या. हे फाटभूयेर भाजपाच्या शिष्टमंडळान आयज मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यांची भेट घेवन आरक्षणाचे प्रक्रीयेक गती दिवची अशी मागणी केली. ह्या वेळार भाजपाच मुळाव्या कमिटीचे वांगडी गोविंद पर्वतकार, एसटी मोर्चाचे अध्यक्ष आनी झेडपी वांगडी मोहन गांवकार, झेडपी वांगडी अंजली वेळीप, धाकू मडकयकार, पुंडलीक रावत देसाय, सिध्दार्थ कुंकळेकार आनी शुभम म्हापसेकार हजर आशिल्ले. केंद्रान हें आरक्षण सगळ्या राज्यांनी लागू केलां आनी हे विशींचें विधेयक संसदेंत समंत जावन गोंय विधानसभेंत ह्या विधेयकाक तेंको

दिवपी थाराव लेगीत घेतला, अशें पर्वतकार हांणी सांगलें. मुखेल निर्वाचन अधिकाऱ्याक निवेदन भेट दिल्या उपरांत तांणी सगळी प्रक्रीया पुराय जाल्या अशी म्हायती दिल्या अशे गोविंद पर्वतकार हांणी सांगले. एसटी आरक्षण संदर्भात समन्वय सादपा खातीर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आनी प्रदेशाध्यक्ष दामू नायक दिल्ली गेल्या, अशेंय पर्वतकार हांणी मुखार सांगलें.

इतलेमजगती गोंय विधानसभेंत अनुसुचीत आदिवासी (एसटी) सीट आरक्षणाची अंमलबजावणी केंद्र सरकार आनी भारतीय वेंचणूक आयोगाच्या फुडल्या निर्देशांचेर आदारून आसा अशें मुखेल वेंचणूक अधिकारी आनी सचीव (वेंचणूक) संजय गोयल हांणी सोमारा सांगलें. एसटी आरक्षणा संबंदी अधिसुचोवणी खंयच्या तारखेक जातली तें भारत सरकार थारायतलें, आनी सध्या वेंचणूक खातें केंद्र आनी ईसीआय ह्या दोगांयच्या सुचोवण्यांची वाट पळयता अशें गोयल हांणी सांगलें.  एसटी आरक्षण कायदो चालीक लावपाची वेळ केंद्र आनी ईसीआय कडल्यान थारायिल्ले प्रक्रिया आनी वेळापत्रका प्रमाण थारायतले अशें गोएलान फुडें सांगलें.

कोंकण रेल्वे पुलीस अधीक्षक शेखर प्रभुदेसाय हांचे कडेन दक्षिण गोंय आनी कुशावती जिल्ह्यांचे पुलीस अधीक्षक म्हूण प्रभारी ताबो दिला. पुलीस महानिरीक्षक के.आर.चौरसिया हांणी आयज ही ओर्द काडल्या. दक्षिण गोंय आनी कुशावती जिल्ह्यांचे पुलीस अधीक्षक संतोष देसाय हे काल 31 मे ह्या दिसा पुलीस सेवेंतल्यान निवृत्त जाले. तांचेकडेन आशिल्ल्या पदांचो ताबो प्रभुदेसाय हांचे कडेन दिला. कोंकण रेल्वे पुलीस अधीक्षक शेखर प्रभुदेसाय हे आयपीएस कॅडर अधिकारी आसून तांणी आदीं दक्षिण गोंयचे पुलीस अधीक्षक म्हूण काम सांबाळां.

गोंयात मान्सून बेगीनूच दाखल जातलो म्हणपाचे वेदशाळेत कळीत केलां. हे फाटभूयेर भारतीय हवामान खात्यान ३ आनी ४ जूनाक यलो अलर्ट जारी केला. सद्या आमी पूर्व-मान्सून पांवड्यार आसात. हो transition पांवडो आशिल्ल्यान

हवामानांत खूप बदल जाणवता अशी म्हायती भारतीय हवामान विभागाचे वैज्ञानिक आणि मुखेली नहुष प्रकाश कुलकर्णी हांणी दिल्या. पूर्व मान्सून पावड्यार हवामानात आर्द्रता वाडिल्ल्यान खूप गर्मी जाता. हाकालागून लोकांक दनपारां, सांजवेळार तशेंच रातीकडें खूप गर्मी सोंसची पडटा. फुडले १ ते २ दिस परीस्थिती अशीच उरतली म्हणपाचे वेदशाळेन कळीत केला.

इतले मजगती, १ जून मेरेन मान्सून केरळांत पावतलो असो अदमास आशिल्लो. फुडले ३ ते ४ दिसांत मान्सून केरळांत पावपाची दाट शक्यताय आसा. मान्सून केरळांत पावपाची अचूक तारीक रोकडीच जाहीर करतले अशे हवामान खात्यान म्हळां.

Mahila Digital Shashaktikaran Yojana ची कार्यावळ हालीच पर्वरी सुकुर पंचायतीतत जाली. म्हायती, तंत्रगिज्ञान, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी संचारण खातें आनी इन्फो टेक कॉर्पोरेशन ऑफ गोवा लिमिटेड वरवीं ही येवजण चालीक लायल्या. ह्या उपक्रमांत बायलांक डिजिटल साक्षरता आनी मुळावें संगणक प्रशिक्षण दिवप, डिजिटल सेवा वापरपाक आत्मविस्व वाडोवप, तंत्रगिन्यानाचो सुरक्षीत वापर आनी शिक्षण, रोजगार आनी वैयक्तीक उदरगती खातीर संद हो ह्या उपक्रमाचो हेतू आसा.

"ही फकत एक येवजण न्हय, तर डिजिटल अंतर भरून काडपाची एक चळवळ. शारी केंद्रांतल्यान आसूं वा गांवगिऱ्या गांवांतल्यान आसूं, दरेक बायलेक गोंयच्या डिजिटल अर्थवेवस्थेंत वांटो घेवपाची कुशळटाय, आत्मविस्वास आनी प्रवेश मेळचो हाची खात्री करपाच्या हेतान ही येवजण राज्य सरकारान चालीक लायल्या अशे हे विंशी उलयतना म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हाणी सागंले.

ही येवजण 18 वर्सां आनी वयर पिरायेच्या गोंयच्या बायलां खातीर उक्ती आसा. ती अस्तुरि उण्यांत उणीं 15 वर्सां राज्यांत रावपी आसपक जाय. हें प्रशिक्षण आयटी नॉलेज सेंटर ,कॉमन सर्विस सेंटर आनी पंचायत हॉल/थळावें केंद्रांनी

आसतले. वर्साक सुमार तीन हजार बायलांक फायदो जावचो असो ह्या उपक्रमांचो हेत आसा.

मोबायल समजून घेवप, सामाजिक माध्यम जापसलदारकेन हातळप, ऑनलायन पैशांचो वेव्हार आनी डिजिटल बँकिंगाचेर प्रभुत्व मेळोवप, डिजिटल बाजारपेठेचो सोद घेवप, वैयक्तीक डिजिटल जागो सुरक्षीतपणन हाताळप आनी डिजिटल संवाद कौशल्य सुदारप अशे विंगड विंगड वेव्हारीक विशय ह्या प्रशिक्षणांत आस्पावतात. आतां मेरेन पर्वरी आनी दिवचले हांगा प्रशिक्षण सत्रां जाल्यांत. सुमार 115 बायलांन ह्या कार्यावळीत वाटो घेतला. हे येवजणे खाला बाणास्तारी, सांखळे, चोडण आनी पेडणे हांगा प्रशिक्षण सत्रां जावपाची आसात.

गोंय राज्यांत रगतांतली साखर म्हणल्यारुच गोडे मुताचे प्रमाण चड आसा अशे राष्ट्रीय कुटुंब भलायकी सर्वेक्षण 2023-24 प्रमाण दिसून आयलां. सुमार तीन दादल्यां मदल्या एका आनी चार बायलां मदल्या एका परस चड बायलांक एक तर रगतांतली साकर चड नोंद जाल्या वा गोडेंमूता खातीर वखदां घेतल्या अशें ह्या सर्वेक्षणात म्हणला.कें द्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान 29 मे दिसा हो सर्वे जाहीर केल्लो.

सर्वक्षणा प्रमाण गोंयांतल्या 32.1 % दादले आनी 27.5 % बायलांक रगतांतली साकर 140 मिग्रॅ/डीएल परस चड आसा वा रगतांतली साकर नियंत्रीत करपा खातीर वखदां घेतात अशे दिसुन आयला. सर्वेक्षणांत फकत कांय वर्सांत दादल्यां मदीं आठ टक्के आनी बायलां मदीं सुमार सात टक्के वाड जाल्या अशें दिसून आयलां.

हेर निकशाविंशी लेगीत ह्या सर्वेत नोंदी जाल्यात .ह्या सर्वेक्षणांत गोंयांत 45.1% बायलो आनी 43.6% दादले मोठे वा चड वजन आशिल्ल्याचें दिसून आयलां.

गोंयांत 99.6% नोर्मल डीलीवरी जाता, जाल्यार सिजेरियन 46.2% जीलीवरी जातात, जी राष्ट्रीय सरासरी 27.2% परस खूब चड आसा अशे म्हणला. हे शिवाय गोंय भारतांतलें एक डिजिटल कनॅक्टेड राज्य म्हणून उदेलां, 94% बायलो आनी 90.9% दादले इंटरनॅटाचो वापर करतात अशे सर्वेक्षणात दिसुन आयला.

गणेश जावडेकर

राना आनी पर्यावरण खात्याचे मंत्री भूपेंद्र यादव हांची भेट घेत हरीत वाठार तशेच शाश्वत उदरगतीचेर चर्चा केली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली. दिल्लीत मुखेलमंत्री हेर केंद्रीय मंत्र्यांच्यो भेटी घेवपाचे आसा.

चार दिसांपयली मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी कुटुंबा सयत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तशेच हेर केंद्रीय मंत्र्यांच्यो भेटी घेतिल्ल्यो. चार दिसा उपरान परतून ते दिल्ली गेले.

इतले मजगती प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हे लेगीत दिल्ली आसा. राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन, सरचिटणीस बी. एल. संतोष हांचे लागी पक्षाच्या संघटणात्मक वावराविशी बसका जातली, अशी म्हायती दामू नायक हांणी दिली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या पुढारपणाकला केंद्र सरकार विंगड विंगड येवजण्यो राबयता.गोय सरकार अंतोदय तत्वाचेर काम करता. गोयकारांनी सरकारी योजनांचो लाभ घेवपाखातीर मुखार सरपाक जाय अशें मत मयें मतदारसंघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हाणीं उक्तायला. मये मतदार संघ युवा आणि महिला समितीच्या दीक्षांत सुवाळ्यात आमदार प्रेमेन्द्र शेट उलयताले. ह्या वेळार त्यांचे सांगतान अध्यक्ष संदीप पार्सेकर, सरपंच विशाल पेडणेकर ,जिल्हा पंचायत वांगडी कुंदा मान्द्रेकर, जिल्हा पंचायत वांगडी महेश सावंत आणि हेर मानेस्त हजर आसले.अनुप

खांडेपारकर हांची युवा अध्यक्ष म्हुण निवड जाली जाल्यार दिव्या उसपकर यांची महिला अध्यक्ष म्हणून निवड जाली.